प्रादेशिक खबरो
१७.०७.२०२५ @ ७.20

गोंयची राजधानी पणजे शाराक स्वच्छ सर्वेक्षण २०२४-२५ चो पुरस्कार फावो जाला
भौशिक सेवा दिवपी कार्यालया लोकांक  सहज उपलब्ध जाता अशा  जागयाचेंर सध्याक स्थलांतरीत करतले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

गोंय कर्मचारी भरती आयोगाच्य  नुतनीकरण केल्या वास्तुचे उक्तावण आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी आयज  जाले.

प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कारा खातीर नामांकनां सुरू जाल्यात

चडांत चड लोकांक  येवजण्यांचो आनी उपक्रमांचो लाव मेळचो  अशें राज्यसभा वांगडी सदानंद शेट तानावडे हांणी  पीआयबी न आयोजीत केल्ल्या एक दीस कार्यशाळेचें उक्तावण करतना सांगलें

Rashmi 200
गोंयची राजधानी पणजे शाराक स्वच्छ सर्वेक्षण २०२४-२५ चो पुरस्कार फावो जाला. राश्ट्रपती द्रोपदी मुर्मुच्या हस्तुकी आयज दिल्लीत  गोंय शार उदरगत मंत्री विश्वजीत राणे हांणी हो पुरस्कार स्विकारलो.  ह्यावेळार पणजी म्हापालिकेचे महापौर रोहित मोनन्सेरात, तशेंच  म्हापालिकेचे आयुक्त ग्लेन मदेर हाजीर आशिल्ले.  केंद्रिय गृह निर्माण आनी शार उदरगत मंत्रालयावतीन आयोजित ही कार्यावळ  नवी दिल्ली विज्ञान भवनात जाली. ह्यावेळार केंद्रिय गृह निर्माण आनी शार उदरगत मंत्री मनोहर लाल, तशेंच राज्यमंत्री तोहखान साहु हाजीर आशिल्ले. 50 ते 20 हजार लोकसंख्या आशिल्ले भारतातल्या ल्हान शारापैकी पणजी हे सगळयात नितळ शार म्हण पणजेक हो पुरस्कार फावो जाला. शाश्वत शार उदरगत, नितळसाण, बरी सेनिटायझेशन उपाय येवजण, कोयराचो शास्त्रीय पध्दतीन विल्हो लावपाची बरी पध्दत, हयो बाबी लक्षात घेंवन हो पुरस्कार सरकारान फावो केला. हे शिवाय  मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या मतदार संघातल्या साखळी शाराक लेगीत ह्या स्वच्छ सर्वेक्षणावरवी  promising स्वच्छ शार हो पुरस्कार फावो जाला. हो पुरस्कार लेगीत मंत्री विश्वजीत राणे हांणी स्विकारलो.ह्यावेळार साखळे पालीकेची नगराध्यक्ष सिद्धी

प्रभु परब हाजीर आशील्ली. हो प्रतिश्ठीत पुरस्कार मेळप हो आमच्या सगळयां खातीर एक अभिमानाचो खीण, निवळ, पाचवे गोंय खातीर आशिल्ल्या आमच्या वचनबद्धतेचें हे प्रतिबिंब अशी प्रतिक्रिया पुरस्कार स्विकारल्या उपरांत शार उदरगत मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिल्या. पणजी म्हापालीका तशेंच साखळी पालिका तशेचं पणजेकारांनी आनी साखळेकारांनी हो पुरस्कार गोय मेळपाक राज्याक पात्र केला म्हण मंत्री राणे हांणी नागरीकांचे उपकार आठयल्यात. हे विशी लोकनिय आपल्यो उर्बेभारीत भावना उक्तायल्योbyte

रश्मी 100

पणजे जुन्ता हावसाच्या इमारतीत आशिल्ली सरकारी कार्यालया सरकारी वसाहतीनी रिती आशिल्या रुमांनी वा कार्यालयांनी हलयतले. फुडल्या दोन वर्साखातीर ही कार्यालया ह्या स्थलांतरीत वास्तुतल्यान काम करतली. जाल्यार जुन्ता हावस बिल्डीगेंचे काम पुराय जाल्या उपरातं परत आशिल्ली तशी ही कार्यालया नव्या वास्तुत स्थलांतरीत करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. भौशिक सेवा दिवपी ही कार्यालया आशिल्यान ती लोकांक सहज उपलब्ध जाता असा जागयाचेंर सध्याक स्थलांतरीत करतले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

जनता हावस म्हणल्यारुच सद्याक जाका लोक जुन्ता हावस म्हण ओळखतात, ती बिल्डींग बाबत स्थितीन आशिल्लया कारणान ह्या बिल्डीगेंक मोडुन नवी बिल्डींग सरकार बांदतले. ह्या बिल्डीगेंत तळ मजल्यार गुदाव, जाल्यार इमारतीच्या हेर माळयार सरकारी कार्यालया आशिल्ली.

रश्मी 180

गोंय कर्मचारी आयोगावरवी नोकरभरती प्रक्रिया सुरु केल्या उपरांत नोकरभरतीविशी पारदर्शकता आनी निवड प्रक्रियेचेर नागरीकांचो विस्वास तयार जाला, हाचे पुराय श्रेय गोंय कर्मचारी आयोगाक वता अशे म्हणीत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयोगाच्या प्रशासनाची आयज तुस्त केल्या. गोंय कर्मचारी भरती आयोगाच्य नुतनीकरण केल्या वास्तुचे उक्तावण आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले.

ह्यानफुडे लेगीत गोंयच्या वेगवेगळ्या खात्यात लागपी कर्मचाऱ्यांची भरती गोंय कर्मचारी आयोगावरवीच जातली. आयोगांन हया पयली 752 पदाखातीर जायरात केल्या. हांतुल्ली 50 पदा भरल्यात अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान कार्यालयाचे उक्तावण केल्या उपरांत उलयतना आयोजित पत्रकार परीशदेत दिली.पारदर्शक भरती प्रक्रियेक लागून लोकांचो सरकाराचेर आशिल्लो विस्वास घट जाला अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. आतां परिक्षा

हॉलांतल्यान भायर सरचे पयलीं निकाल तपासूंक मेळटलो अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.ह्या वेळार गोंय कर्मचारी निवड आयोगाचे मुखेल सचीव आनी अध्यक्ष आयएएस, डॉ.व्ही.कंदावेलू, आयोग वांगडी नारायण सावंत, गोंय कर्मचारी निवड आयोगाचे सचीव आयएएस निवृत्त शशांक ठाकुर, दौलत आयएएस निवृत्त हवलदार, कलाकार आयोगाचो लोगो तयार करपी सिद्धार्थ गायतोंडे हान्चो भोवमान केलो.आयोगावरवी घेतिल्लया नोकरभरती परीक्षांचो निकाल पारदर्शकपणान लागिल्लयान नोकरभरती विशी आता पारदर्शकता आयला अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.अडकुन उरील्ली नोकरभरती आयोगाच्या मजतीन बेगोबेग जातली अशे तांणी म्हणला.

40

आमच्या आयकुप्यांक हे खास ..राष्ट्रीय सांख्यिकी कार्यालयाचे गोय फाट्यांचे संचालक मोहन जीनाप्पा बामणे हांची बाम्बिनो डायस हानी घेतील्ली मुलाखत आज आयकात रातच्या साडेनव वराचेर एफ एम रेनबोचेर. सांख्यिकी कार्यालयान अन्वेषा २.० या नावान एक प्रश्नमंजुषा सर्त फाल्या गोयातल्या महाविद्यालयीन आणि विद्यापीठीय विद्यार्थ्यां खातीर आयोजित केल्या.

सुभाष 110

प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कारा खातीर नामांकनां सुरू जाल्यात. हो पुरस्कार १८ वर्सां सकयल्या प्रतिभावान भुरग्यांक दितात.समाज सेवा, पर्यावरण, खेळ, कला आनी संस्कृताय, तशेंच विज्ञान आनी तंत्रगिन्यान ह्या मळार खाशेली कामगिरी करपी भुरगीं ह्या पुरस्काराक पात्र आसात. गोवा समग्र शिक्षण अभियानाचे प्रकल्प संचालक डॉ.शंभू घाडी हांणी ३१ जुलय मेरेन हीं नामांकनां ऑनलायन सादर करपाचें आवाहन केलां. दरेक माध्यमीक शाळेच्या शिक्षकांक आनी प्राचार्यांक प्रतिभावान विद्यार्थ्यांक वेंचून तांकां ऑनलायन नामांकन भरपाक लावंचे अशें आवाहन डॉ. घाडी हांणी केलां. प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार २०२५ खातीर नामांकनां ३१ जुलयाक बंद जातली. ते आदीं ही सगळी प्रक्रिया पुराय जावंक जाय. ह्या पुरस्कारा विशींची विस्तारीत हेर म्हायती आदिवासी कल्याण संचालनालयाच्या पोर्टलाचेर उपलब्ध आसा अशें समग्र शिक्षा अभियानाचे मुखेली डॉ.शंभू घाडी हांणी कळीत केलां

DIP 150

केंद्र सरकाराचीं वेगवेगळीं कार्यालयां गोंयांत कार्यरत आसात जीं वेगवेगल्यो येवजण्यो चालीक लायतात आनी समाजीक सेवा दितात चडांत चड लोकांक ह्या येवजण्यांचो आनी उपक्रमांचो लाव मेळटलो अशें राज्यसभा वांगडी सदानंद शेट तानावाडे हांणी माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयाच्या अंतर्गत प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरो (पीआयबी)-गोवान पोरन्या गोंयां आयोजीत केल्ल्या 'तुमच्या भोंवतणचो दर्या जाणून घेयात' ह्या विशयाचेर एक दीस कार्यशाळेचें उक्तावण करतना सांगलें.

राज्यांतल्या ह्या कार्यालयांच्या कार्यावळी विशीं म्हायती दिवपा खातीर असो माहितीपूर्ण कार्यावळ घडोवन हाडपा खातीर तनावाडे हांणी पीआयबी संचालक नाना मेश्रम आनी ताच्या पंगडाची फुडें तोखणाय केली. प्रसार माध्यमांच्या सहभागान अशा कार्यशाळांनी उद्देश निश्चीतपणान साध्य जातलो अशेंय तांणी सांगलें.

लोकांक जाय आशिल्ल्या कार्यावळी, धोरणां, कायदे आनी हेर म्हायती विशीं लोकांक म्हायती दिवपा खातीर पीआयबी दर खेपे अशे तरेचे कार्यक्रम घडोवन हाडटा असो उल्लेख प्रेस म्हायती ब्युरोचे संचालक नाना मेश्रम हांणी आपल्या उलोवपात सांगले

विकसीत भारताचे स्वप्न साधताना जण एका नागरिकाक आमच्या सरकारचे आणि संस्थाचे कामा कशी चलतात ते खबर असुंक जाय अशे tanawde उलयले.

स्पोर्ट्स 20

गोयचो बास्केट बोल पटू २३ वर्साचो जेशुआ पिंटो संसारिक विद्यापीठ बास्केट बोल सर्तीत भारताचे प्रतीनिधीत्व करतलो. सरत जर्मनीत १९ जुलै सावन सुरु जातली.

IMD 80

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या राज्यात फुडले सात दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक 30 ते 40किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 50 किलोमीटर इतलो वाडू येता